पणजी राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM 09.03.2025

**संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो**

संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो दुसरो भाग फाल्यां सुरू जातलो. 4 एप्रील मेरेन चालू आशिल्ल्या अधिवेशनाच्या दुसऱ्या टप्प्यांत 20 बसका जातली. अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण फाल्यां मणिपूराचें अर्थसंकल्प मांडपाचे आसात. फाटल्या म्हयन्यांत मुख्यमंत्री एन.बीरेन सिंगान राजिनामो दिल्या उपरांत राज्य राष्ट्रपती सत्तेखाला आसा.अधिवेशनांत 2025-26 वर्सा खातीर अनुदानाची मागणी आनी संबंदीत विनियोग विधेयकाचेर चर्चा आनी मतदानाचो विचार जातलो अशें आमचो संवाददात सांगता. अर्थीक वेवसाय सोडल्यार बँकींग कायदे (दुरुस्ती) विधेयक, दर्यादेगेवेलें जहाज येरादारी विधेयक, 2024,

इमिग्रेशन आनी परकी विधेयक, 2025, रेल्वे (दुरुस्ती) विधेयक अशे जायते कायदे अधिवेशनाच्या दुसऱ्या टप्प्यांत चर्चा आनी संमत करपा खातीर घेतले.संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो पयलो भाग 31 जानेवारी ते 13 फेब्रुवारी मेरेन जालो. संसदेच्या दोनूय सभाघरांच्या संयुक्त बसकेंत अध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी केल्ल्या संबोधनान अधिवेशनाची सुरवात जाली. अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी 1 फेब्रुवारीक केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर केलो. दोनूय सभाघरांनी राष्ट्रपतीच्या संबोधनाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी धन्यवाद प्रस्तावाक जाप दिली. लोकसभेंत पयल्या भागांत 112 टक्के उत्पादकता नोंद जाल्या. तशेंच वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक 2024 विशींच्या संयुक्त समितीचो अहवाल लोकसभेंत मांडलो.

**प्रकाश नड्डा**

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी सगळ्यां खातीर भलायकी सुनिश्चीत करपाची आनी देशांतल्या भौशीक भलायकी संस्थांक घटमूट करपाची वचनबद्धताय परतून दाखयल्या. आयज नवी दिल्लींत नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ हेल्थ अँड फॅमिली वेलफेअर-एनआयएचएफडब्ल्यूच्या 48व्या वर्सुकी दिसाच्या उत्सवांत ते व्हर्च्युअली संबोधीत करताले. देशांतल्या भौशीक भलायकी वेवसायिकां खातीर प्रशिक्षण, संशोधन, आनी क्षमता निर्माण करपाचे कार्यावळी करपाक एनआयएचएफडब्ल्यू मुखार आसा अशें श्री नड्डा हांणी सांगलें.संस्थेंतल्या राष्ट्रीय थंड साखळी आनी लस वेवस्थापन संसाधन केंद्राचें म्हत्व उक्तायतना श्री नड्डा हांणी सांगलें की, केंद्राचें उत्कृश्टताये खातीर आंतरराष्ट्रीय केंद्रांत सुदारणा करपाचें काम सुरू आसा. हो विस्तार फकत देशांतल्यान न्हय

तर संवसारीक पांवड्यार लसीकरण आनी पुरवण साखळींत भारतान केल्ल्या फुडारपणाची गवाय आसा अशें मंत्री हांणी सांगलें.

**अनुप्रिया पटेल**

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी सांगलें, भारतान भौशीक भलायकी नव्या युगांत प्रवेश केला आनी सरकार सार्वत्रिक भलायकी कव्हरेज वाडोवपाचेर लक्ष केंद्रीत करता. आयज नवी दिल्लींत नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ हेल्थ अँड फॅमिली वेलफेअराच्या 48व्या वर्सुकी दिसाच्या उत्सवाक संबोधीत करतना तिणें सांगलें, सरकार भलायकी सेवा लोकांक सुलभ आनी परवडटा. देशांत प्राथमीक, माध्यमीक आनी तृतीयक भलायकी सेवा घटमूट करपाक सरकार काम करता अशें तिणें सांगलें. तशेंच, देशांतल्या वैजकी

म्हाविद्यालयांचो आंकडो 2014 वर्सा 380 आशिल्लो तो 2024 वर्सा 787 जाला अशें तिणें सांगलें.

**संवसारीक ऑडियो व्हिज्युअल**

संवसारीक ऑडियो व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर सभेचो एक भाग म्हूण जावपी एनिमेशन फिल्म निर्माते सर्ती खातीर १९ आंतरराष्ट्रीय भाग घेवप्यां सयत वट्ट १,२९० भाग घेवप्यांनी आपलीं नोंदी सादर केल्यांत. वेव्स समिटाची पयली आवृत्ती मे म्हयन्यांत 1 ते 4 मेरेन जातली. सर्ती खातीर सादर करपाचो काळ फाटल्या वर्सा 10 सप्टेंबराक सुरू जाल्लो आनी फाटल्या वर्सा 30 नोव्हेंबराक बंद जालो. ह्या नोंदींची निमाणी निवड फुडल्या म्हयन्यांत जाहीर जातली. हौशी आनी वेवसायीक दोगांयक आपले सृजनशील कल्पना दाखोवपाची एक आगळीच संद ही सर्त मेळटा. सहभागींक तज्ञ मार्गदर्शन, मास्टरक्लास, आनी उद्देग फुडाऱ्यां मुखार आपले प्रकल्प मांडपाची संद मेळटली, रोमांचक इनामां आनी जागतीक उक्तावण मेळटली.

**प्रधानमंत्री**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींतल्या एम्साक भेट दिवन उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हांचे भलायके विशीं चवकशी केली. तशेंच पंतप्रधानान तांची भलायकी बरी आनी बेगीन बरे जावपा खातीर मागणें केलें. उपराष्ट्रपती धनखराक काल रातीं अस्वस्थतायेची कागाळ करून हॉस्पिटलांत दाखल केल्लो. सध्या श्री धनखराची भलायकी स्थीर आसा अशें सूत्रांनी सांगलें.